भरत नायक

मना मना

भरत नायक हांचे
अेकांकी संग्रह

तिसरे माळयेर बस!

(कोंकणी भाशा मंडळाचो
पुरस्कार फाव जाल्लें)

चपलाहार

(कला अकादमीचो
साहित्य पुरस्कार फाव
जाल्लें)

बॉबी न्हिदता तेन्ना

भेरें भेरें टुणटुणें

K. Gokuldas Prabhu,
CORPORATION BANK

मना मना

(मनकवनां)

भरत रघुवीर नायक

शणै प्रकाशन
वेलींग-गोंय

शणै प्रकाशन–२२

पयली खेप – डिसेंबर १९८२

सगळे हक्क बरोवप्यासुवादीन

उजवाडावपी :

शणै प्रकाशन

वेलींग–गोंय

४०३४०४

छापपी :

काझ उदय प्रिंटींग प्रेस

पोस्ट ऑफिसालागीं

पणजी–गोंय

४०३००१

मुखचित्र : साईनाथ पडते

मोल : १० रुपया

म्हज्यांवले
काव्यशक्तिची
म्हाका जाणविकाय
करून दिवपी
नागेशबाब करमली
हांकां

नमस्कार,

अुदकाच्या दर्यांन नुस्तें तसो हवेच्या दर्यांत मनीस पेंवता. दर्यांतल्या नुस्त्याक विचारशात – तुवें अुदक पळयलां ? तें म्हणटलें – कसलें आसता ? अुदकाच्याच अुस्वासान जें जियेता, अुदकाबगर जें जियेवंकूच शकना, ताकाच खबर ना अुदक म्हणजे कितें ! मनीस मनांत बुडला, मन मनशांत भल्लां, तरी लेगीत मनशाक ताजी अजून सारकी वळख मेळूंक ना.

ह्या मनांनी अेक दीस म्हाका घुस्मटायलो. कितल्याशोच राती न्हिदूंक दिलोना. अेक अेक धरून पारखुपाचो हांवें यत्न केलो. पुण अुजवाडाक बचको मारचो आनी मुठींत काळोख येवचो तशी गत जाली. त्या काळखांतूय मनां आसलीं. ह्या दिसनाशिल्ल्या काळखांतल्या मूठभर मनांची पारखणी करपाचो विचार करतनाच कबनां घडलीं.

ल्हान तोंडान मोठो घांस माल्लो. माफ करात – पुण ताका अुपाय नासलो. दोळ्यांमुखार नाचपी तांबडेंगुंज सफरचंद पळोवन तोंडाक अुदक सुटलें. रावूं नज जावन घांस माल्लो. घांस मारूंक नासलो जाल्यार अजून तळमळत अुरतलों आसलों. घांस तोंडभर जाल्ल्यान तोंड अुगडेंच अुल्लें. अुतर सुटना जालें. देखून बारीक बारीक कुडके करचे पडले.

'कोंकण भारती' चे संपादक भौ. यशवंत पालेकार हांका हांवें म्हजीं मनां दाखयलीं. ताणी आपल्या १९८१ वर्साच्या दिवाळी अंकांतल्यान कांय मनां वाचप्यांमुखार दवरून ह्या कवनांचें म्हत्व म्हाका पटोवन दिलें. पद्मश्री डॉ. र. वि. पंडित हांणी मुद्दाम मागून घेतलीं. आनी कांय वेंचीक मनां आपले निपूण चिमटेंत धरून १९८२ वर्साच्या 'भगवती' दिवाळी अंकांत नटयलीं. भौ पुंडलीक नायक हाणी वेळावेळार दाखयल्ल्या उजवाडाच्या आदारान पावलां मुखार घालीत रावलों भौ. नंदकुमार कामत आनी अशोक भोंसलो हांच्या सतत स्फूर्तदेण्या उतरांनी पावलांत शक्त निर्माण जाली. कवी भौ. पांडुरंग भांगी हांच्या दोन उतरांनी मनांक रंग आयलो, आनी संग्रहाच्या रूपान हें पुस्तक सौ. वसुमती वेलींगकार हाणीं शणै प्रकाशना वतीन तुमच्या हातांत पावयलें.

१५ आगस्ट, १९८१ ह्या दिसा उजवाडायल्ल्या एकांकी संग्रहाच्या चार पुस्तकां उपरांतचें हें म्हजें पयलेंच काव्याचें पुस्तक. हीं कवनां वाचून तुमचीं मनां तुमकां जाणवलीं तरी म्हज्या मनांतल्या गुपाट काळखाक उपाट खोस जातली.

तुमचे सगळयांचे उपकार कशे आठोवं ?

तुमचो

– भरत नायक

दोन अुतरां

प्रौ. भरत नायक हांच्या ' मना मना ' ह्या मनकवनांच्या झेल्याक कोंकणी सरस्वतिच्या मंदिरांतले कोंकणीचे रसिक फाव तो येवकार दितले, अशी आस्त हांव धरतां.

जर्मंत कवी रिल्के, हांचें ' अेका कवीक बरयल्लीं पत्रां ' हें पुस्तक वाचून कोण कविता रचूंक पावना. कवी हो जन्माकच येत्रचो पडटा. कविता हो जसो अेक कविचो छंद आसता, तेच परी कविता ही देवाचेंय अेक देणें आसता.

चित्रकलेक रंगांचो आधार आसता. शिल्पकलेक फातराचो आधार आसता. अुतरांक मात खाशेलो असो तांचो आकार वा घाट नासता, जीव वा प्राण नासता. असल्या ह्या निर्जीव अुतरांत प्राण फुकून कविक संवेदना जागोंवच्यो आसतात. देखून, काव्याक सदांच श्रेस्ठ कला मानल्या.

कवितेंत कोण कोणाचो गुरू जावंक पावना. ज्याणें ताणें आपली वाट आपणेंच सोदून काडची आसता. खासा आपल्या दोळ्यांनी हो संवसार पारखुचो आसता. आपल्या वर्तमानाच्या निरखणांतल्यान भविश्याचे वेध घेवपाचे आसतात.

कविता ही कला जाल्ल्यान कलेवरींच कवितेक केन्ना सामाजिक हेतू नासता. कवितेचो सामाजिक परिणाम घडूं येता. कविन विचार करचो आसता तो मुखावेल्या पिळग्यांचो. जी फुडल्या पिळग्यांचेर परिणाम करूंक पावता, तोच संवसाराच्या संचितांत आपली खाशेली अशी भर घालता.

कविता ही जेन्ना कविचें व्रत जाता, कवितेचें जेन्ना ताका पिशें लागता, तेन्नाच कविक आपल्या व्रताची जाणविकाय मेळटा. ही जाणविकाय जातकीर, जिणेची खर सोदता आसतनाच, तो मळबाक गिंवसण घालता. अशे साधनेंतल्यान जेन्ना कविची कविता येता, तेन्नाच ती कविता वाचप्यांकय, तांचे जिणेच्या प्रवासांत तांची अध्यात्मिक घडण घडोवन वता. त्या खातीर ही कविता सासणादिक जांवची पड्टा. आनी कविता सासणादिक जातली जाल्यार, ज्या काळार ती जन्मता, त्या काळाचें बंधन ते कवितेन हुपचें पड्टा.

ज्याका मन आसा तो मनिस. अखेरेक खंयच्याय तत्वज्ञानाचे वा कलेचें मेज–माप हो मनिसच आसता. हजारांनी वर्सां अुलगलीं आसतनाय, मनशाचें मन हें आजुनय गुढच आसा. दिसपट्टें तें नवीं नवीं कुवाडीं घालीत आसा.

भरत नायक हें जाणात. देखून आपल्या मनाच्या अंतर्मनांचो ते सोद घेतात.

मनासारकें थिल्लार आनी दुसरें कोण ना. केन्ना तें तरे तरेचे विकल्प निर्माण करता. दुस्वासान फुस्कारता. यशान सुखावता. अपेसान निर्शेता. अपेसान निर्शेल्लें आसतनाय निर्धारान आपली वाट

चलत रावता. केन्ना तें 'शिरगांवच्या जात्रेंतल्या होमकणाच्या अगळचांची धगधगती रास जाता.' केन्ना हात वळसर झाडाचे खांदयेक गोळोव मारता, आनी तेन्नाच तें 'पांखां लावन सुकण्यावरी अडून वता. कामणिकाराक हळडुवें म्हण्टात तेचवरी मनाकय केन्ना केन्ना कामीण जाता आनी पळेता तें हळदुवें दिसूंक लागता.

केन्ना केन्ना जसो मोन्याक अुलोवंक येना आशिल्ल्यान, आपल्या मनांतलो कल्लोळ सांगूंक कळना, आनी कुडुचाक संवसार निरखूंक मेळना, तेच वरी आपलेंय मन जाल्लेवरीं तांकां दिसता. ते खिणभर घुसमट्टात. जाल्यारूय ही तांगेली निर्शेणी कांय खिणच अुरता रोखडेच–

काळचा कुपांचे
घांटार घांट
म्हज्या मना आड
मन सुर्य किर्णांनी
झगझगायले
कांठान कांठ

अशें अुमेदिन ते भरतात.

मन हे अथांग आसा हें तांका खबर आसा. ताचो थांग लागुनय लागना. देखून मनाकच ते विचारतात :

दोळचांत म्हज्या नदर
कुडींत आत्मो खंय !
रे मना
सांग म्हाका
तुजो आस्पाव खंय ?

आनी

तुकाच लागून अुरता हांव
संवसारांत घुस्पून

अशें ते मनाक शिटकायतात.

ताचे कवितेंत रंग आसा. घाट आसा. भावनेचो अुमाळोय आसा. ताची ही आयची कविता म्हळ्यार तांगेले फाल्याचे कवितेची फातोड. ते जितले जितले जिणेच्या वशाव तारी खेळांत घुस्पून ' वर्या]पलतडीन बघपाचो यत्न करतले, तितलें तितलें तांच्या अणभवांचें मळ रूंद आयत वतलें. मनाचे अगड घळींत रिगून ते जिणेची खर हाडटले, आनी मळबाक गिवसण घालपाक झोंपे मारतले हातूंन दुबावच ना. आनी मागीर, मनाचे मानशेची चावी अुक्ती करतकीर भावनांचो कल्लोळ अुसळून फाकतलो, अथांगाचो थांग घेत. हें म्हगेलें भाकीत खरें जांव अशें देवाकडेन मागून, तांगेलींच अुतरां अुस्णीं घेवन, तांच्या यांमडाच हांवंय म्हण्टां :

अेक मन अशें
अुजवाडाचें पिसें
काळखांत पसून वावुरता
अुजवाड कशें

पणज, ९–११–१९८२

-पांडुरंग भांगी.

मना मना

वेळेवयले रेंवेंकण
अेकेक मेजून दाखय
मनांत म्हज्या कितलीं मनां
अेकेक वेंचून दाखय.

ऐक मन अशें
अुजवाडाचें पिशें
काळखांत पसून वावुरता
अुजवाड कशें
आनी ऐक मन
काळोखूच धन
अुजवाडांतूय हेडटा
काळोख कशें.

ऐक मन अुडटा
ऐक बुडटा
ऐक पैंवता, ऐक व्हांवता
ऐक वादळावेल्यान धांवता

ॲक मन पेट्टा
ॲक पेटयता
ॲक मन अितलें थंड
अुजो पालयता.

मना तुज्या
जनेलाचे
अशे कशे
पडे ?
तूं पयता
सगलें पुण
तुका पळोवपी
कुडे !

अे मना
हुसक्यामेकळी
गुरगुरी न्हीद
हांव न्हिदतां जंय
तेन्ना तूं खंय ?

फिरंग्यांचे जुलूम आयकून
गुलामगिरीच्या काळांत वता
तेव्हा जलम घेवंना म्हुण
अेक मन स्वताकूच बडयता

मन जमनीरपेंवता
आनी दर्यार चलता
काळखांत बेठेंच अुडटा
आनी अुजवाडांत दडटा

ऐक मन धर्मी
ऐक अधर्मी
ऐक खुर्सार चडयता
ऐक सोडयता

अणभवल्लें मन म्हजें
आवय जावन
धाकटुल्याच्या हाताक धरून
चलूंक शिकयता.

म्हज्या मनाचो पांवस
झडलो घराघरार
पावळ्चो धरूंक कळशे घेवन
बायलां सगळयांत मुखार.

मन रंगीत
पिशोल कर
मेळत ताजेर
ओडीत चल

रातच्या काळखांत मनां म्हजीं
संप करतात
व्हडाव्हडान नारे दिवन
मोर्चे काडटात, घेराव घालतात
बंड करतात
फातर मारतात, अुजे घालतात
अुजवाडटच्या अुजवाडांत
संवसाराच्या येरादारींत
दंग जातात.

ऐका मनान दुसऱ्याक सांगलें
हांव न्हिददतां, सकाळीं पांचांक उठय
आपुण न्हिदून उरत म्हूण
पयलेंमन पांचमेरेन जागेंच रावलें

ऄेक मन मुमकें सुणें
भोंकिना पुण सोडिना.
ऄेक मन बोबाटें
भोंकता पुण चाबना.

मन म्हणजे सोंशीक
यादी काडून कुशीक
विखाचें वखद करून
घाय पेखयता.

वावझडीचें मन म्हजें
जनेलांतल्यान आयलें
सपनाळे न्हिदेचें
हातुण केलें ओलें.

मना मना चल सोडून
येवं नाका परतून
तुकाच लागून उरतां हांव
संवसारांत घुस्पून.

मन म्हजें न्हंय न्हय
मानशेंची चायी
बांद फुटच्या पयलीं मात
चायी सोडूंक जायी.

मनाक म्हज्या
पळोवं नाका
सुर्या परस खर
मनांक म्हज्या
आफडूं नाका
झेला परस हून

कोण नासता घरांत तेन्ना
सुणो आसता दारांत
दुकाळाच्या काळांत
मन दरवटचांत

मन मन
न्हिदरें मन, जागें मन
न्हिदरें मन
न्हिदता तेन्ना न्हिदता
सपनां पळयता जाग्यांनी
जागें मन
जागता तेन्ना जागता
सपनां घडयता न्हिदांनी

काळखीं मनां भुतांशीं
लिपून पयतात दिसाचीं
जाय थंय जाय ताका
व्हरून लागतात रातीचीं.

तुका सोदपाखातीर मनां
खंय खंय पावलीं
दोळे धांपून पयलें तेन्ना
मनांतूच गावलीं.

अेक मन रुजलें
अेक रुजयलें
अेक मन कुसलें
अेक कुसयलें
अेक मन अुदक ना म्हुण
दुकांनी भिजयलें.

मळबाची अुंचाय तशी
मनाची खोलाय
कुपांराशी कुशीक सारून
भीतर नदर माराय

ऐका मनाक
कामिण जाल्या
पळेत तें
हळडुवें

मन दुखण्याक
अेकूच वखद
काळ-मलम
काळ-मलम

अेक मन
पाकणा फातर
माल्ली ओळ पुसना
अेक मन
अुदका फाट
ओळूच धरना.

मन तळयेंत
भल्लां रेब
फातर गुंडे
कोयर कोयर
शितळ थंड
मळब रंग
नितळ संथ
वयर वयर

म्हज्या मनाच्या कुपांनी
वाघ, शींव, अस्वल, सोरोप केले
हत्ती, घोडे, राजे, भाले केले
माकड, सोंशे, सुणीं, कोले केले
आनी परतून मळब नितळ केलें.

म्हजें मन
शिरगांवच्या जात्रेंतल्या
होमकणाच्या अिंगळच्यांची
धगधगती रास

सांतांच्या पुसविांक
अुकतींअुरूतीं थानां
थानाथानार सुळसुळीत
रंगरंगयाळीं मनां.

दोळ्यान पळयलें
कानान आयकलें
मनाक कळयलें
मनान म्हळें
सोंसून धर
दोळ्यान हळूच
दुक गळयलें.

चलता चलता
जेन्ना जेन्ना
सुंदर चली दिसता
थंयच ताका
घट्ट धरून
जमनीर आडवें घालता
भर रस्त्यार
लज सोडून
मन बलत्कार करता.

रान रान
बंद झाडांत
हरयाळेर आंग
कुपांकुपांत
सुर्य बंद
तो वसंत
मन वसंत.

अेक मन
बापायच्या पुताच्या
अुसळत्या रगताचें
अेक मन
आवयचे धुवेचे
सुखाळ मायेचें
अेक मन
आलमपेडुंर पुताच्या
तडीवयल्या बापायचें
अेक मन
हातुणार पडलेल्या
दुयेंत आवयचें.

ताज्या हांशाक
ॲेक मन
शिरकलें
ताज्या वचपांत
मना सूत
घुस्पलें

थाले मारून
दवर म्हाका
कैदेय बंदखणींत
मन म्हजें
व्हरतलें म्हाका
दर्या पलतडीन.

केन्नाय म्हज्या
मना दोळ्यांत
कुसळ पडटा
आनी
हिमालय लेगीत
विरघळटा.

शब्द विरयत
मोगा अुलो
काना आदीं
मनाक आयकूं
येता पयलो.

बऱ्या आनी वायटाचे
मन काडटा फोटे
थोडे पडटात पोंदाक
थोडे मुखार अबे
दोळे बारीक बारीक तशे
फोटे मोटे मोटे.

फाटिवेलो चाबकांमार
वरांय पेखयता
मनावेलो मोनो घाय
पिराय पेखयता.

तन मुरगुटलें
तेन्ना मन कांचवेलें
आतां मन मुरगुट्टा
आनी तन सुरकुट्टा.

रे मना
तीं मनां
निखटें हारशे
वांकडे आनी बुरशे
तूं तातूंत पयता
तीं पडबिबां
अेकांत लांब
अेकांत मोटवीं
हारशा प्रमाण.

मनाक म्हज्या
पेटोवचें आसा
पेटलेंलो दिवो घेवन
अजो सोदूंक भोंवता.

मनान अेका
करून थेयलां
भावनेचें मंगळसूत्र
दुसरें चल्लां
बांदीत पांयांक
वासनेंचें घुंगूर.

दोळ्यांत म्हज्या नदर
कुडींत आत्मो खंय !
रे मना
सांग म्हाका
तुजो आस्पाव खंय ?

मना तुका
ना मास ना हाड
ना रगत ना कुड
तरी तुजे अस्तित्व
अेक सत, अेक गूढ.

बिण्ण काळोख
अख्ख्या मनांत
शुकशुकाट
म्हाल म्हाताऱ्या
झाडार ऐका
रात किडींचो
किरकिराट.

गल्लेंतले
गर्देच्या
अेकाच चाळींत
रावपी मनां–
असंख्य मनां–
कोण कोणांक वळखना
कोण कोणांक पळयना.

बारा दिकांनी
बारा मनां
अेकाच बळग्यान
ओडटात म्हाका
देखून हांव
पिजत वतां.

तन घडपाक
सरली जीण
मन घडपाक
अेकूच खीण

यादी फातरान
मना रेंवेंतलें
सवण्या भिरें
अुडून गेलें
वाटां विरयत वाटांनी
आनी फातर तांच्या
पांया खुणांनी.

काळचा कुपांचे
घांटार घांट
म्हज्या मना आड
मनसुर्यकिणांनी
झगझगायले
कांठान कांठ.

मन मन
सुकें रान
सुन्न सुन्न
मन वन
तन्ने पान
धुंद धुंद.

सांवार आयलो
आनी हांव
चलत रावलों
हातांत सुरो . .
मनान म्हळें
– बरें न्हय, रडटलो
हावें म्हळें– वतलोंच
मनान म्हळें
– हांव येना, चल अेकलोच
आनी अेक
खून जालो.

पडटचा राती
म्हज्या मनाक
सुगंधीत
वासाचो ध्यास
फायचया घरा
फाटल्या दारा
फुलून येतले
रातराणयेंचो वास.

कोंग्यातले घुलयेंतलें
मन म्हजें
कोण ना तेन्ना
हळूच भायर सरून
ओले रेंवेर
भोंवत रावता.

मना झिलांतलें
सवण्या भिरें
भूररं करून
अुडून गेलें
हांव थंयच थारलों
मन ल्हव जालें . .
आनी जड जालें.

मुळासकट भूंयफुलां
विणून केल्ली
विचारांची माळ
ओल्या काळजाच्या गळचांत
म्हजें मन.

मना ल्हारार
अेक तारूं
विगड विगड
लोक तांतूंत
ल्हार अुडटा
तारूं बुडटा
कुरूप मरता
सुरूप अुरता.

मना मना
दोंगर नाका
फोंड जा
पावस पडचो आसा.

नळ्याच्या बुराकांतल्यान
अेक कांडी सुर्यकिरण
कुडींत देवलें
आनी देखलें
मनाभीतर हजारांनी
शबै घालपी धुळीकण.

मना,
तूं हांव काय हांव तूं ?
काय हांव हांव आनी तूं तूं ?
काय तूं, हांव आनी तूं ?
काय हांव, तूं आनी हांव ?

म्हज्या मनाच्या
खोणकुलांत रोमलें
भल्लेल्या गाडयाचें
अेक रोद
आनी सगळें अुदकूच
खडूळ जालें
रोद सुटना
अुदक निवळना.

अज्या कोलत्यो
धारे सुळयो
चारूय वटयां
घेरता तेन्ना
संगिताची
सतार वाजयत
मग्न रावता
तीं मनां
सु . . . मनां

पांय दुखता
हांव थारतां
हांव बसलां
मन चलता
अेक प्रवास
अशीम वाट
अनवळखी थळांत
वासनेच्या
सपन मळांत
फकत मन
हांव बसलां
हांव बसलां.

मन म्हाल
मदें
अुदकाभीतर
अुडी मार
पेंव
सर भीतर.

मोन्याक अुतरां
कुड्डयाक विश्व
तशें मना
तूं म्हाका.

थंडेच्या कुडकुडयांत
अेका मनान
दुसऱ्याक पेटोवन
अूब घेतली.

पोंदा खोल दरी
वयर झाडा खांदयेक
हात वळसर
गोळ मारी
तेन्ना म्हजें मन
पांखां लावन
अुडून वता सुकण्यापरी.

म्हज्या मानान
तांच्या मनांक
ना मान ना भान
बायलेच्या तोंडाक
घोवाचो कान
घोवाच्या तोंडांत
बायलेचें थान.

ऐक मन
दोन व्हडीं
दोनूय चल्लीं
पलतडीं.

मनाची कुड
रितो करपाक
वण्टीवेल्यो
सगल्यो मुत्यों
फोडून मोडून
भायर अुडयल्यो
तरी वण्टीर अुल्ल्योच
अेकेकाच्यो खुणो.



भरत नायक कोंकणी नाटच चळवळीच्या बुन्यादी बावरांतलो अेक म्हालगडो तरनाटो. आज तो अेक अुत्तम नट, कुशल दिग्दर्शक, बरो कवी आनी प्रयोग-क्षम अेकांकीचो बरोवपी म्हण नांवा-रुपाक आयला. सृजनशील साहित्यिक आनी कलाकार अशा दोन गुणांनी ताच्या व्यक्तिमत्वाक तेज आयलां. कोंकणी भाशा मंडळाचो साहित्यिक पुरस्कार आनी गोंय कला अकादमीचे अुत्कृष्ट अभिनय आनी दिग्दर्शनाचे कितलेशेच पुरस्कार जोडपाचें भाग्य ताका लाबलां. ताचो लख्ख फुडार पारखुपाक कोणां ज्योतिशाची गरज ना

— पुंडलीक नारायण नायक